**<u>पर्यटन क्षेत्रांत थळावें मनीसबळ तयार करपाची गरज- मुख्यमंत्री</u>**

ता. 26 सप्टेंबर 2024

पर्यटन क्षेत्र हे गोंयच्या अर्थवेवस्थेचो मुखेल घटक आसून ह्या क्षेत्रांत गोंयच्या तरणाट्यांक रोजगाराच्यो संदी मेळचें खातीर तरणाट्यांक योग्य प्रशिक्षण दिवन कुशळ मनीसबळ तयार करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्यटन संचालनालयान दोनापावला राजभवनाचेर आयोजीत युवा पर्यटन क्लब मेळाव्याक मुखेल सोयरे म्हूण उलयतना सांगलें.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान म्हणलें, जर आमी कुशळ मनीसबळ तयार करपाक फाटी पडले जाल्यार गोंया भायले लोक येवन ह्या क्षेत्रांत रोजगार मेळयतले. युवा पर्यटन क्लब हो युवकांक पर्यटन मळावयल्या रोजगारा खातीर तयार करपाचो उपक्रम आसा. बेरोजगार तरणाटो ह्या माचयेर येवन पर्यटन क्षेत्रांत रोजगार मेळोवपाक शकता. आयच्या काळात पर्यटन क्षेत्राचो अध्यात्मिक, भलायकी आनी हेर प्रकारात विस्तार जाल्लो आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंय हे संवसारांतले उत्कृश्ट पर्यटन स्थळ करपा खातीर नवीन संकल्पना घेवन येवपी तरणाट्यांक पर्यटन खात्यान आमंत्रीत करून आपले उपक्रम आनी कार्यक्रमांनी सहभागी करून घेवचे, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकी युवा पर्यटन संकेतथळाचे उक्तावण जाले.

पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी पर्यटनाल्यान एकजूट आनी शांतीकायेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर युवा पर्यटन क्लब हे एक माध्यम आशिल्ल्याचें सांगलें. ह्या क्लबाच्या माध्यमातल्यान शाळा आनी म्हाविद्यालयीन पांवड्यार पर्यटनाक उबारी दिवपी नेतृत्व तयार करपाचो प्रयत्न आसतलो. गोंयच्या पर्यटन क्षेत्राचो फुडार तरणाट्यांच्या हातांत आसा आनी असो उपक्रम सुरू करपी गोंय हे पयले राज्य आसा, अशें पर्यटन मंत्र्यान सांगलें.

पर्यटन खात्यचे संचालक श्री. सुनिल आचिपाक हांणी येवकाराच्या उलोवपात युवा पर्यटन क्लब पर्यावरणपुरक पर्यटनाक प्रोत्साहन दिता आनी पर्यटक आनी थळाव्यांमदीं आदरातिथ्याची भावना निर्माण करता, अशें सांगलें.

पर्यटन सचीव श्री. संजीव आहुजा, ट्रॅव्हल एण्ड टुरिजम असोसिएशनचे अध्यक्ष श्री. जॅक सुखिजा आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्लें.

पर्यटन विकास म्हामंडळाचे उपसरवेवस्थापक श्री. दिपक नार्वेकर हांणी निमाणे उपार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/519

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.